

# खरेंलें प्रादेशिक तेंच विश्वात्मक

सामाजिकतेची, सनातन नैतिकतेची आनी कल्याणाची जाण कथाकाराक सदांच आसूंक जाय.


◆ मूळ मराठी - लक्ष्मणराव सरदेसाय

◆ अणकार - प्रियदर्शिनी तडकोडकार


**तेजस्वी साहित्याच्या गर्भांतल्यानच श्रेश्ठ मनीस जल्माक येतात. मनीसपणाच्या ध्यासान पिशे जाल्ले कलाकार नव्या विचाराचीं बिंयां रोयतात, तेन्नाच क्रांती जातात... साहित्य नाशिल्लें जाल्यार संवसाराचो नर्क जावपाचो.**

साहित्यीक आनी साहित्यमोगी भावां भयणांनो! गोमंतक मराठी साहित्य संमेलनाच्या १५ व्या अधिवेशनाचें अध्यक्षपद तुमी म्हाका दिल्ले बद्दल हांव तुमचो भोव उपकारी आसां.

आजवेरच्या म्हज्या जिविंतात हांवें जें कितें पळेलां, आयकलां, अणभवलां, जी जीण हांव सियेलां ते अतीव आस्थेन, मनाचे तळमळीन, काळजाच्या कळवळ्यान, कांय तत्त्वां रगतांत रिगोवन, हेरां कडल्यान चडशें घेवन पूण तांकां इल्लेशें दिवन, हेरांचे जिणेचे खरायेक बुडी मारून, सत्ता संपत्ते पसून पयस उरून न्हय तर तांचे पसून प्रयत्नान पयस रावन, वेळार धोके पत्करून, केन्ना भौसा कडेन एकरूप जावन तर केन्ना पयस विजनवासांत एकोडो रावन - हे प्रदीर्घ साधनेंतल्यान - प्रक्रियेंतल्यान जें मेळ्ळां तीच म्हजी कमाय. तिच्याच बळग्यार, म्हज्या दुबळ्या पांयांचेर पूण खंबीर मनान उबो रावन हांव म्हजे प्रचीतीचे बोल तुमकां आयज सांगतां.

म्हजो पिंड म्हळ्यार ललित साहित्य. ताचे कडेन एक-नश्ट राविल्ल्यानच संकश्टा कडेन झुजतना म्हाका धीर आनी आधार मेळ्ळो. म्हाका केन्नाच प्रेरणांचो दुकळ जाणवलो ना. म्हजो 'प्रिमिटिव्ह' स्वरुपाचो - रांगडो पिंड आनी भोंवतणचो 'सोफिस्टिकेटेड' - वेव्हारचतुर संवसार हांतल्या अटळ कलहांतल्यान उप्राशिल्ले कठीण परिस्थिती कडेन झुजतना म्हाका केन्नाच आंतरिक सामर्थ्याच्या उणेपणाची जाणविकाय जाली ना. लोककल्याणाच्या ध्यासांतल्यान लोकाभिमुखताय आयली आनी लोकांचे मोने सहानुभूतींतल्यान धादोसकायेचो वझरो व्हांवत रावलो. मोहाच्या प्रसंगार मनाची दुविधा जाली ना. हेरां खातीर जें केलें तें मोठ्या प्रमाणांत फळादीक जालें. हें फळ म्हळ्यार म्हजी आंतरिक तांक. मान-सन्मान न्हय. तस्निपो, इनामां न्हय. तुस्त तोखणायेचोय पावस न्हय. ताका हांव भियेतां. ताचे पसून पयस रावतां. साहित्यसेवा आनी भौसाची सेवा हांचे मदीं हांवें भेद केलो ना. अध्यापन आसूं, स्वातंत्र्यसंग्राम आसूं, भाशाकारण आसूं ना जाल्यार राजकारण आसूं, हांव सगळ्याच गजालींनी रंगलों, आनी रसमय जालों. खरी जीवनशक्त थंयच पैदा जाली. पूण वेगळ्या वेगळ्या मळांचेर म्हाका जें मेळत गेलें ते मुखेलपणान साहित्याक मेळ्ळें. पिरायेच्या १५ व्या वर्सा सावन सारकीं साडेचार तपां व्हांवत वचपी साहित्यप्रवाह तरेकवार निश्टांनी, तरेकवार अनुभूतींनी प्रतीत जाल्ल्या सत्यांनी वाडत गेला. केन्ना वेल्या तळा वेल्यान तर केन्ना पोटांतल्यान, पूण तो आटूंक ना. जेन्ना परार्थाचे धकाधकींत घुसपलों तेन्ना निर्मणी जाली ना. जेन्ना अंतर्मुख जावन एकांतांत रावलो तेन्नाय निर्मणे कडेन दुर्लक्ष जालें. पूण पयले - धकाधकीचे अवस्थेंत साहित्याचें मूळ द्रव्य, म्हळ्यार जिणे अणभव, ते बेभान जावन घेतले. आनी दुसरे अवस्थेंत - चिंतनाचे अवस्थेंत - त्या अणभवांक लागून अनुभूतींक लागून नवें व्हिजन,





**विश्वात्मक जावपाक सगळें जग भोंवपाची गरज ना - प्रादेशिकूच न्हय तर ग्रामीण जावनूय विश्वात्मक जावं येता.**

नवी नदर मेळ्ळी आनी निर्मणेची शक्त हांव वाडयत गेलों. अशा वेळार साहित्यीक संवसाराचे नदरेन म्हज्यांतलो साहित्यीक ना जायत वतालो. पूण तेच अवस्थेंत म्हज्यांतलो कलावंत आकार घेतालो. सगळ्यो भायल्यो उपाधी विसरून केल्ले हे म्हजे साधनेन म्हाका निर्भय केलो. आयज म्हज्या जिविताचें एकच एक साल भव्य आनी उजवाडान भरिल्लें आसा. तांतूंत कोनशे नात, पड्डे नात. एके वटेच्या जनेलांतल्यान भितर आयिल्लो वारो दुसरे वटेंतल्यान शेकानशेक भायर वता. पयशे जोडपाची एक कूड, कीर्त एके कुडींत, मान-सन्मानाची आनीक एक कूड, कूट-कारस्थानां करपी आनीक एक खण असो प्रकार म्हजे कडेन ना. हांव आयज साहित्यनिर्मणे खातीरच उबो आसां. ही आत्मस्तुती न्हय. ती वस्तुस्थिती. म्हज्या बऱ्या-वायट, ल्हान-व्हड व्यक्तिमत्त्वाची फाटभूंय तुमकां कळची आनी हांवें केल्ल्या साहित्य विवेचनाचो अर्थ तुमकां सोंपेपणी लावपाक येवचो देखून तिचें हें निवेदन

**ललित साहित्याची शक्त**

ललित साहित्य ही एक व्हड शक्त. करमेल्ल्या मनशांक तिचोच एकमेव आदार कसो. 'परित्राणाय साधूनाम् विनाशायच दुष्कृताम्। धर्मसंस्थापनार्थाय संभवामि युगे युगे।।' अशें कृष्णभगवानान म्हळां तेंच आयज साहित्या संबंदान म्हळ्यार जायत. तेजस्वी साहित्याच्या गर्भांतल्यानच श्रेश्ठ मनीस जल्माक येतात. मनीसपणाच्या ध्यासान पिशे जाल्ले कलाकार नव्या विचाराचीं बियां रोयतात, तेन्नाच क्रांत्यो जातात. समाजांची, राष्ट्रांची उलथा-पालथ जाता. पूण तांतुंतल्यानच समाजाक पर्थून थिरताय आनी उदगत सादूंक मेळटा. गुलामपणाच्या काळा सावन आयच्या लोकशायेच्या काळा मेरेन राष्ट्रा राष्ट्रांत, समाजा समाजांत जे संघर्श जाले तांचीं कारणां कसलींय आसूं, साहित्यान त्या काळांतल्यान उप्राशिल्ल्या विखांचेर उपाय सोदून काडपाचे यत्न सतत केल्यात. ह्या यत्नांतच ताचें यश आसा. तत्वाज्ञांनी, ऋषींनी कल्पिल्ली, आंवडेल्ली 'सहवीर्यं करवावहै' ही अवस्था आमी गांठूंक नासली जाल्यारय आमचीं पावलां योग्य दिकेन पडटात. साहित्य नाशिल्लें जाल्यार संवसाराचो नर्क जावपाचो. राष्ट्रीयत्वाची भावना, धर्माची भावना हांणी समाज वेगळायलो, राष्ट्रां वेगळायलीं आनी तांचे मदीं



विकारी जिणेक विचाराच्या पांवड्यार व्हरप हें ललीत साहित्याचें म्हत्वाचें काम.

दुस्मानकाय हाडली. पूण ही भावना पयस करपाचें कार्य सदांच साहित्यान केलां. साहित्याक धर्म ना, राष्ट्रीयत्व ना. ताका खंयचोच अभिनिवेश ना. पक्षपात ना, तें कोणाचेंच वाली ना. आसलेंच जाल्यार निखटे सनातन नितीचें, धर्माचें, विश्वशांतीचें, विश्वकल्याणाचें. देखून खंयच्याय समाजांत श्रेष्ठ साहित्यीक निर्माण जाले जाल्यारय ते देशातीत, कालातीत आसतात. ते विश्वात्मक आसतात. श्रेश्ठ साहित्यान केन्नाच झुजाचो वा झगड्यांचो पांखो घेवंक ना. धर्मप्रचारकांनी, सत्ता पिपासु राजकारण्यांनी तो घेतला. साहित्यान क्रांतीचो उद्‌घोष केला. पूण तो अनितीचो आनी अन्यायाचो निशेध म्हूण. तरां तरांच्या आनी जायत्या यातनांनी पिडिल्या मनशांक पिडेंतल्यान मुक्त करपाचे कश्ट श्रेश्ट साहित्य युगां युगां सावन घेत आसा. मनशाचें खरेलें आशास्थान ते हेंच. चालंत धर्म न्हय. कुड्डीं शास्त्रांय न्हय. तांकां निश्ठा ना. देखून मनीसपणाचे अग्रंवर सुखशांतीची गांठ सोडोवपाक तीं असमर्थ. हें बळगें निखट्या साहित्याच्याच आंगांत आसा. संवसारांत तरां तरांच्या धर्मपंथांनी, राजकीय प्रणालींनी, अज्ञान, दारिद्र्यान वांटून गेल्ल्या मनशांत करुणेची जी वावळी गुंथल्या ती तुटूं नये म्हूण आनी तुटल्यार गांठावपाचें काम साहित्य सदांच करीत आयलां. हें सांदपाचें, गांठावपाचें कार्यूच साहित्याचें व्हडलें कार्य.

साहित्याच्यो कितल्योय व्याख्या आसूं, त्यो तांचे परीन खऱ्योय आसतीत पूण हांव तांचे भानगडीक वचना. म्हाका भुलयता ती ताची हीच शक्त. तिच्या बळग्यार संवसारांतलीं दोन तोकांवेलीं - दक्षीण आनी उत्तर ध्रुवा इतलीं पयस आशिल्लीं, सगळेच बाबतींत पयस आशिल्लीं मनशां एकठांय येतात, एकजीव जातात आनी एका समान धाग्याचे जाणविकायेन कालपथाचेर सहकार्याच्या तत्त्वान पावलां मारतात. अशा ऊर्जस्वल साहित्याच्या संदर्भांत, ताचेच निर्मणे प्रक्रियेचें विवेचन आतां हांव करतां.

### अभिजात साहित्य

कलाकाराचें यश ताचे संवेदनेंन आसता. ताची संवेदना कलात्मक आशिल्ल्यान ती निर्मितीक्षम जाता. सादी संवेदना - कुडीची संवेदना - तीव्र आसूंक जायना. ती संतुलितय आसची पडटा. तेन्नाच भाववृत्ती सौंदर्यवृत्तींत बदलता आनी ती भूत आनी वस्तुमात्राक पोशेवंक लागता. तेद्या वेळार नातें, जात-पात, धार्मिक संस्कार, परंपरेन आयिल्ले संकेत, समाजमान्य कल्पना हांची धुंवरी निवळटा आनी एका खेरीतच उजवाडांत मुखावेलें सैम, जीवसृष्ट हालूक धोलूंक लागता. उलोवंक लागता. हांसूंक रडूंक लागता. तेन्ना कलाकाराची नदर सामकी हळुवार, मोगाळ, खरायेची आनी व्यापक जाता. मागीर तिका निरीक्षणाची एक खेरीतच शक्त मेळटा. वेव्हारांत हरशीं निरस आशिल्ल्या बारीकसाणींचीय अपुर्बाय दिसूंक लागता. अर्थशून्य सामान्य वास्तवतायेक अर्थाच्यो आंकऱ्यो फुट्टात. कथेचें वातावरण तयार जाता. प्रसंग-पात्रां वेगळीं आनी वातावरण खेरीत अशी स्थिती उरना. कलाकृतीचीं सगळीं आंगां एकरूप जातात. वेगळे धागे, विंगड विंगड रंग, पूण तांतल्यान मात एकूच वस्त्र सोबीत आनी सुंदर.

अभिजात साहित्यांत मंत्रातंत्राचो संगम जाता. सताचो सोद घेवपाची तांक मंत्र दिता जाल्यार ताका कलात्मक रुपकार दिवपाचें काम तंत्र करता. जांणी मंत्र आत्मसात केला तांकां तो उकतावपाचें तंत्र आपशींच आयिल्लें आसता. मंत्र साकार जावनच भायर येता. आनी जांकां मंत्र आफडुंकूच ना तेच तंत्राचे बडवाचार मातयतात. साहित्याचे सांगाडे कशे घडोवप हें सांगपांतूच ते गुल्ल जातात.

तेजा बगर मंत्र ना. सामर्थ्या बगर तेज ना. पूण हें सामर्थ्य आत्म्याचें, सत्तेचे वा संपन्नकायेचें न्हय. सत्ता, संपत्त हांचें खिणयाळें सामर्थ्य मेळ्नूय कर्मकट्टेच उरिल्ले लोक आमकां पावला कणकणीं मेळटात. मंत्र आनी सुवार्थ हांचो मेळ जमना. जो तेजाची उपासना करता ताका, सुवार्था कडेन फाट करचीच पडटा. तो वेव्हारांत अपेशी थारता. पूण ताकाच अग्रंवर वैभव मेळटा. आत्मिक गुणांचो विकास म्हळ्यार एक व्हड दिव्य. तें करपाक गेल्यार भिरांकूळ अरिश्टां सोंसचीं पडटात. 'सत तेंच उलयतलों आनी सत तेंच बरयतलों' ह्या एका निर्धाराक लागून साहित्याच्या इतिहासांत शेंकड्यांनी साहित्यविरांक आपणाले जीव वगडावचे पडल्यात. आत्मिक सामर्थ्याचें हें एकवत भयंकर कडक. तें गुळगुळीत उतरां आनी रंगयाळ्या कल्पनाचें एकवत

न्हय. रामायण - महाभारताच्या काळांत शस्त्रां मंतरताले. साहित्याच्या आधुनिक शस्त्रांकय होच न्याय आसा. साहित्य मंतरूंक जाय तें आत्म्याच्या तेजान. नाजाल्यार कांय काळा उपरांत तें भौसा पसून अंतरले बगर रावना. ज्या साहित्यकारा कडेन हें तेज ना तो हेरांक कसो तेजिश्ट करत? आनी तेजिश्टपणाच मनीसपणाचो कणो.

### अनुभूतिची गरज

हो मंत्र, हें तेजिश्टपण जाका लाबलां ताका मनाचे एके विशिश्ट धारणेची - ॲटिट्यूडची - प्राप्ती जाता. आयज मेरेन ओबडधोबड, क्रूर दिसपी वास्तवताये फाटल्यान लिपिल्लीं सतां ताका दिसपाक लागतात. आनी तीं कलात्मक स्वरुपांत उकतावपाची शक्ता ताका मेळटा. सदच्या लौकिक वेव्हारांत ताका अनीत, अन्याय, सोंगां-धोंगां, चिमटीभर सुवार्थ, क्षुद्र आकांक्षा, हांचो तामसी खेळ दिसताच. पूण तांचोच आदार घेवन साहित्यीक एक नवो शुभंकर, मंगल असो संवसार रचता. हे प्रक्रियेंत मंत्र आनी तंत्र एकजीव जातात. मंत्रातंत्रांत भेद करून ताचेंच अवडंबर मातयतात ते कर्मदळिद्रे साहित्यिक.

रुखाक उदक मातयेचें जितलें म्हत्त्व तितलेंच साहित्यिकाचे जिणेंत अणभवांक. अणभव नाशिल्ल्या साहित्यिकाचें मन बावता. ताचें जिवीत म्हळ्यार रेब्याचें कोंड जाता. भगवद्गीतेंत श्रीकृष्णान साहसाक गिन्यानी मनशाचें पयलें लक्षण मानलां. साहसा बगर श्रेश्ठ साहित्यिकाचें अस्तित्वच नासता. आंगांत वीरताय नासल्यार साहित्यीक जिवितांतल्या गंभीर प्रस्नांक तोंड दिवंक पावचो ना. तो पळवाटो सोदूंक लागतलो आनी खरेल्या अणभवांची अनुभूती ताका येवंची ना. गुलामपणांत कुसत पडिल्ल्या जातिवंत कलाकाराक झुजाचो अणभव घेतले बगर रावपाकच येना. दरिद्री समाजांतल्या कलाकाराक दरिद्री लोकां मदीं बसप, उठप, जेवण-खाण ह्यो नित्याच्यो गजाली केले बगर पर्याय ना. आमगेल्या देशांत दरिद्री चड, गिरेस्त उणे, रोगी चड निरोगी उणे, निरक्षरी चड, बरपाक्षरी उणे, दुखेस्त चड, सुखी उणे. अशी विशमताय अणभवून पचयले बगर कलाकाराक ताचेर बरोवपाची स्फूर्त मेळची ना. ताच्या मनाक करुणेचो स्पर्श जावंचो ना. निखटे प्रतिभेच्या बळग्यार खरी करुणा जल्माक येना. ती लटीक जावं येता. कलाकार जायते फावटीं जादुकार जाता. तो म्हणटा : "आमी निखटे प्रतिभेच्या बळग्यार बरोवंक शकतांत. आमकां प्रत्यक्ष खडतर अणभवांची कसली गरज?" संतांनी अशें केन्नाच म्हणूंक ना. परमेश्वराचो सोद घेवपी संतांनी दुख्खाचे साबार अणभव घेतल्यात देखूनच तांचें साहित्य अग्रंवर जालें. मनशाच्या सत्य स्वरुपाचो सोद घेवप हें साहित्यिकाचें ब्रीद. संतां वरी ताचें मन विशाळ, व्यापक जावंक जाय. सुखासनाचेर सुरक्षीत रावन तो जर दळडिराचेर बरोवंक सोदतलो जाल्यार ताका कसलो अर्थ आसा? तुमकां अणभवांची गरज ना मूं? मागीर तुमी भोगाचे, चैनीचे, साबार लौकिक सुखाचे अणभव मात मोठे रुचीन घेतात ताचो अर्थ कितें? इंद्रियांचीं सगळीं सुखां तुमकां जाय. दुःखां मात नाकात? भोग जाय त्याग नाका! कलाकाराक सुख-दुःख, त्याग-भोग सारकेच. सुखा-दुःखांत, भोगा-त्यागांत तुमची अनुभूती सारकीच चंवरून येवपाक जाय. सार्त्र, काम्यू पॅरीस शारांतलीं सुखां खोंटावन स्वातंत्र्य झुजांत उडी घेतात. मालरो इंडो-चायनांत वता. इमिल झोला ड्रायफसची केस चलोवपा खातीर आपणाल्या आयुश्याचीं १५ वर्सां हालउग्राद्र्यांत काडटात. व्हिक्टर ह्यूगो, व्हॉल्तेरा सारके म्हालगडे साहित्यीक परागंदा जातात. आमी जिविता कडेन प्रामाणीक रावल्यारच साहित्या कडेन प्रामाणीक रावंक पावतले. निश्ठे बगर निर्मणेक बळ ना. जिणेंत आपालिपा, छक्केपंजे, धरसोड केल्यार ह्यो साबार गजाली साहित्यांतय पोंवतल्यो आनी साहित्य खवदळून उडयतल्यो...



**जाग येवप हें जिवंतपणाचें पयलें लक्षण - आज आमकां आमच्या साहित्यीक सामर्थ्याची जाण आयल्या.**

### कलाकारच कथाकार

... मुळांत जो कलाकार ना तो केन्नाच कथाकार जावंक पावना, चडशे कथाकार कलाकार नासतात. अशें आसुनूय ते बरयतात. खूब बरयतात. कलेची कसवटणी आंकडो आशिल्ली जाल्यार तांकांच श्रेश्ठ कताकार म्हणूं येताले. शेंकड्यांनी कथा बरयिल्ले कांय कथाकार तुमी पळेल्यात आसतले. पूण तांची एकय कथा आमच्या मनाचेर प्रभाव घालूंक पावना. बरोवपाची उमेद म्हूण वा नामनेची आसक्ती म्हूण ते बरयतात. खरेल्या कलाकाराचो जल्म जाता तो आवयच्या कुसव्यांतच. म्हळ्यार, कला ही पिंडांतच



**सत्या आनी संपतीचो लोभी जालो म्हणटकूच साहित्यिकाची निर्मिती दुबळी जाता.**

आसपाक जाय. सभाव, रूप, रंग जशे पिंडांतल्यानच येतात तशीच हीय गजाल. पिंडाचेर संस्कार जाले उपरांतच कला आकार घेता. पूण कला म्हळ्यार निखटो आकार न्हय. निखटें तंत्र न्हय. कला म्हळ्यार संवसारांतली सोबिताय पारखुपी नदर. आंतरीक तांकीचो हेतूपूर्वक आविश्कार. जाणविकायेच्या भिंगांतल्यान घेतिल्लें संवसाराचें दर्शन. हे शक्तीकच प्रतिभा म्हणटात. तिचे बगर कलाकृतीचो जल्म जायना. आकार हें भायलें आंग. कलेचें अंतरंग वेगळें. तें भायल्या आंगांतल्यानच उकतें जाता. पूण कथेचो आकार सोबीत आसलो म्हूण कथा सोबीत जाता अशें न्हय.

सगळ्यांत म्हत्त्वाचें तें कथाबीज. अनुभूतीची शक्त जाचे कडेन आसा ताकाच तें दिसपाक लागता. अनुभूती म्हळ्यार वयले वयलो अणभव न्हय, इंद्रियभोग तर न्हयच. जे अणभव आमकां खरायेंतलें सत वळखूंक दितात ते. संवसारांतल्या घुस्पागोंदळाचे सुसंवाद सूर आयकुपा इतली तीव्रताय आनी नकसूदपण आमगेल्या मनाक हाडटात ते. जे अणभव संवसारांतल्या गोंदळांतलें संगीत आमचे सुवादीन करिनात त्या अणभवांक म्हत्त्व ना. आमगेल्या इंद्रियभोगांक दिव्यत्व दिवपाची तांक कला दिता. भायल्यो घडणुको आनी प्रसंगांच्या मुळांत मनीस सभावाचो जो अर्थ आसता ताचो तिका सोद लागता. हेंच तत्त्वज्ञान कलाकाराचें तत्त्वज्ञान. शास्त्रज्ञाचें न्हय. श्रेश्ठ कलाकार हो मुळांत तत्त्वगिन्यानी आसता. विश्वांतले मुळावे प्रस्न ताका भेश्टायतात आनी खोसय दितात. जीण-मरण, सुख-दुःख, पाप-पुण्य हांचो व्याप आनी अर्थ हांचे बाबतींत निखटे बुद्दीन न्हय जाल्यार मनाच्यो आनी आत्म्याच्यो सगळ्यो शक्ती वेंचून तो चिंतन करता. आपणाले संभ्रम वा सिद्धांत तो जित्या मनशांच्या सभावांतल्यान भावनेच्या बळग्यार उकते करता. मुळावे प्रस्न ताका अस्वस्थ करतात आनी हे अस्वस्थतेंतल्यानच ताची कथा जाता. नीत अनितीची, स्वार्थ-परार्थाची, भोगा-त्यागाची. संवसारांत चलिल्लीं झुजां ताका सवस्थ बसूंक दिनात. स्वार्थी, वेव्हारी मनशाक ह्या गजालींचें टॅन्शन येता तें खेरीत. आपल्या मनांतल्यो इत्सा भागना जातकच विकारांचो क्षोभ जाता आनी ताचें टॅन्शन येता. ते मनशाक बादता आनी ताका सकयल ओडटा. उरफाटें कलाकाराचें टॅन्शन म्हळ्यार तांकीचो वझरो. श्रेश्ठ साहित्यिकाक हें असलें टॅन्शन आसताच. ते बगर ताचे कलेक तेज-ओज येना. खरो कलाकार असल्याच टॅन्शनाचेर जियेता. तो गरीब आसूं, गिरेस्त आसूं, टॅन्शन ताका सोडिना. ह्या गुणाक आनीक एका दुसऱ्या गुणाची म्हळ्यार मॅच्युरिटीची - परिपक्वतेची - जोड मेळटा तेन्ना साहित्य उंचेलो पांवडो हुंपता. थंय दिव्य आनी भव्य अशें किर्ते तरी लिकलिकूंक लागता. आनी ताच्या साहित्यांत फिलॉसॉफिकल कंटेन्ट आनी विजडम आपशींच येता.

**सबजेक्टीव्ह हें कथाकारालें अंतरंग**

घडणुकांचे वास्तवतायेचेर सबजेक्टीव्हचे (वस्तुनिश्टतायेचे) संस्कार जातकच कथा नवें कलात्मक रूप घेता. वस्तुनिश्टता हें कथाकाराचें अंतरंग. वास्तवताय ही चिकटमाती. वस्तुनिश्टताय तिची म्हूर्त घडयता. कथा बिजांतल्यान येता. पात्रां आनी प्रसंग हांच्या संघर्शांतल्यान वा संगमांतल्यान कथानक वयर सरता. तेन्ना तें कथेच्या परिणामाक पोसवण दिवपी थारता. आशय आनी परिणाम ह्या कथानकांतल्यान पाझरतात. साबार श्रेश्ठ कथाकारांक कथानकाची गरज लागल्याच. कथाकार कथाबिजाच्या विचारान भारावता तेन्ना ताच्या मनाची जी अवस्था जाता तांतुंतल्यान कथानक आपशींच भायर सरता. तेन्ना प्रसंगांची / घडणुकांची मांडावळ मुद्दाम करची पडना. प्रसंगच सभाविकपणान मुखार येतात. जायते खेपो वेव्हाराची निरखणी करतना पुराय कथानकच घडिल्लें दिसता. तांतूंत आशय भरप, परिणामाचे नदरेन पात्रां उबीं करप हें ताचें काम. केन्ना केन्ना एकाद्रीच घडणूक तांतूंत ताका दिसता आनी थंयच कथावस्तू उबी जाता. मागीर उरिल्ले पूरक प्रसंग आपशींच तयार जातात. केन्ना केन्ना श्रेश्ठ विचारवंताचो एकाद्रोच भव्य दिव्य विचार ताणें वाचिल्लो आसता आनी ताच्या मनांत कथाविश्व उबें जाता. इतलें खरें, एकाद्रें तत्त्व सिद्ध करपा खातीर म्हूण कथाकारांनी गणित मांडून कथानक घडोवं नये. तशें केल्ल्यान स्वयंस्फूर्तताय शेणटा.

निखटो विस्तार साहित्याक दर्जो हाडूंक पावना. ल्हान कथा गुणवत्तेन व्हड आसूं येता हें खरें. पूण

फावो तो विस्तार कथेक लाबलो ना जाल्यार परिणामाचे नदरेन ती मोटवी जाता. कथाकाराक विस्तार करपाची तशी ती आटापशीर करपाची तांक आसूंक जाय. कथाबीज व्हड पूण जर तें कथाकाराक तोललें ना, फावो त्या प्रमाणांत ते फुलोवपाक आयलें ना जाल्यार कथेच्या विकासाक बादा येता. विस्तार हें भायलें आंग खरें, पूण ताचो संबंद कलाकाराले आंतरीक प्रक्रिये कडेन आसता. विस्तार म्हळ्यार सूज न्हय. ल्हान मुर्तीक भायल्यान माती थापून वाडयल्लो आकार न्हय. विस्तार सभावीक आसपाक जाय. निरोगी कुडीचे दरेके पेशीची भायल्या, भितरल्यान वाड जाता तशीच ही क्रिया. कलाकाराच्या मनांत मुखेल कल्पनेचें बीं शिंवरता तेन्नाच ताच्या विस्ताराची प्रक्रिया ताच्या मनांत सुरू जाता. आनी मागीर ती शब्दबद्ध जावन साकार जाता. साबार आंगापांगांची पुरायेन वाड जाले बगर सोबितायेक पूर्णताय येना. भुरगें सुंदर पूण ताची वाड खुंटली जाल्यार तें लेगीत खुंट्टा. तागेले अस्कत जीवनशक्तीचें हें लक्षण. होच नेम कथेकय लागू जाता. कथेचो विस्तार वा आटवण हें कथाकाराले आंतरिक प्रक्रियेचें कॉन्शियश अशें फळ जावंक जाय.

जाणविकाय तीव्र जावपाक दिवप हें पयलें काम. आंतरिक सामर्थ्य नाशिल्ल्यान कथेक विस्तार येवंक पावलो ना अशें रसिकाक दिसपाक फावना. कथाबिजाक आकार येवचे पयलींच कथाकारान कथेचो विशय आनी हेर सगळीं आंगां हांचो परिणामाचे आनी आशयाचे नदरेन मनांतल्या मनांत जतनायेन आनी तपशीलवार विचार करपाक जाय...

कथाकाराक सॅल्फ आयडेंटीफिकेशनाची शक्त व्हडा प्रमाणांत गरजेची आसता. वास्तवताये कडेन तादात्म्य पावपाचे तांकींतल्यान हेर कांय गूण येतात. सैम आनी समाज हो कथाकाराच्या जिविताचोच एक वांटो जाल्लो आसूंक जाय, आपणाली जीण इंद्रियभोगा मेरेनच अशें ताणें समजूंक फावना. जिणेची व्याप्ती वाडून तिचे भितर सैमाचीं साबार रुपां आनी समाजाच्या म्हळ्यार भोंवतणच्या मनशांच्या सुखादुःखाचे विशय आसपावन घेवपाक जाय. विशय वेंचून काडटना सैमाची आनी समाजाची याद दवरप आनी हेर वेळार मात आपणाल्याच सुखादुःखांत गुल्ल आसप हें कथाकाराक सोबना. तशें घडटा तेन्ना ताका कल्पनेचेर निंबून रावचें पडटा. मागीर तो शारांतल्या खंयच्या तरी एका ब्लॉकांत बसून पूण कल्पनेच्या बळग्यार पळोवंक नाशिल्ल्यो सुवातो आनी मनशां हांचें चित्रण करपाक लागता. पूण तें चित्रण केन्ना केन्ना निरस आनी कृत्रिम जाता हाचें कारण, तो ह्या वास्तवा कडेन समरस जाल्लो नासता.



**साहित्यिकाचें लोकीक यश पळोवन ताच्या साहित्याचो कस लावंक येना.**

कथानकाचो उपेग आशयाचे अभिव्यक्ती कडेन जावपाक जाय... 'हाउ मच लँड?' हे टॉलस्टॉयचे कथेक कथानक ना तर? तें आसूनय ती कथा श्रेष्ठ जावंक ना व्हय? पात्रां आनी घडणुको हांच्या सांगातान कथानक उबें जाता. कथाबीज आनी आशय हीं अमूर्त आंगां व्हड आसलीं जाल्यार पात्रां आनी प्रसंग आपशींच तांचे विद्युत्शक्तीन गती आनी आकार घेतात.

### साहित्याची पोसवण भुंयेंतल्यान

मनीस आमी सैम हांचे संबंद इतले लागींचे आसात की कलेक बादा हाडले बगर ताका ते तोडुंकूच येनात. सैमा कडेन फाट करतकच मनशाची जीण नीरस आनी निःसत्त्व जाता. मोगांत पडिल्ल्या तरणाट्याक चान्न्याची, मळबाची, दर्याची ओड आसप सभावीक न्हय तर?

गोंयचे सांस्कृतिक परिपक्वतायेचो - कल्चरल मॅच्युरिटीचो उपेग गोंयकार साहित्यिकांनी करून घेवपाक जाय. निजाची प्रगल्भताय आसून भागना. कलाकारान आपणालें आगळे-वेगळेपण राखूंक जाय. ताची जपणूक करूंक जाय. पूण आपणाल्या समाजा कडेन, सैमा कडेन, सांस्कृतिक दायजा कडेन एकरूप जावन. गरज पडल्यार झगडून. अपूर्ण वास्तवतायेचेर आपणाल्या आदर्शाचे संस्कार करून साहित्याची निर्मणी करूंक जाय. तत्त्वां आनी सतां कितलींय व्हड आसलीं जाल्यारय जिविता कडेन तांणी फाट फिरयली म्हणटकीच तीं निराकार - ॲबस्ट्रॅक्ट - उरतात. आनी ललित साहित्यांत प्राण घालपाक तीं असमर्थ थारतात. देखून मराठी साहित्यिकांनी आपणाली प्रतिभा आनी गोंयची सांस्कृतिक महत्ता हांचो एकवट घडोवन हाडूंक जाय.

भूंय आनी थंयची भास हांचो संबंद तोडून ललित साहित्याची पोसवण जावंकच शकना. जियेल्ले



**प्रसिद्धी वेगळी आनी जायरात वेगळी.**

जिणेची पोसवण करून घेवन तिचो आविश्कार केले बगर खऱ्या निजाच्या ललितसाहित्याचो जल्मच जायना. दामोदर मावजो, पुंडलीक नायक, मीना काकोडकार, शीला नायक ह्या नवे पिळगेंतल्या कथाकारांक हें सत होलमलां. देखूनच ते कोंकणी साहित्यांत नवें पर्व निर्मूंक पावल्यात. नवोदित मराठी साहित्यिकांत प्रतिभासंपन्न अशे तरणाटे बरोवपी लेखक आनी कवी म्हाका दिसतात. आपणालें मराठी साहित्य समृद्ध जावचें ह्या हेतून म्हजी तांचे कडल्यान अशी अपेक्षा आसा की तांणी आपणाल्या साहित्याची निर्मणी करतना वयर सांगिल्लें सत विसरायेर घालूं नये. नरेंद्र बोडके, जयराम कामत, वासंती नाडकर्णी, मीना गायतोंडे, दत्ता नायक, सु. म. तडकोडकार, नयना गुरव, प्रतिमा पै, शरद नरेश, निलिमा आंगले बी हे नवे कलावंत पिळगेचें भविश्य उजळ आसा. मात तांणी भूमीजन्म तांकीचें म्हत्त्व वळखूंक जाय...

... भुंयेंत सैम आनी समाज आसपावतात. समाज म्हळ्यार मनशां. तांच्या जिविता कडेन समरस जावनच साहित्यिकांक आपणालें साहित्यविश्व निर्माण करचें पडटा. अशें केलें ना जाल्यार तो काल्पनिक विश्वांत हुमकळत रावता. भूंय आनी भाशेंतल्यान उर्बा घेवपाची बुद्द ताका येना. आनी मागीर तो पळोवं नाशिल्ली आनी अणभवूंक नाशिल्ली जीण रंगोवपाचो उपद्व्याप करूंक लागता आनी ताका लागून ताचें साहित्य कृत्रिम आनी लटकें जाता.

## साहित्यांत प्रादेशिकताय जाय आनी विश्वात्मकताय जाय.

मनशाच्या भायल्या-भितरल्या जिविताचें दर्शन घडोवप हें ललित साहित्याचें कार्य. थळ, काळ, धर्म, संस्कृताय, परंपरा इतिहास अश्या विंगड विंगड संस्कारांचो आपरोस म्हळ्यार व्यक्ती. देखून संवसारांतलें खंयचेंय प्राचीन-अर्वाचीन साहित्य प्रादेशिकच आसता. प्रादेशिकताय नाशिल्लें अभिजात साहित्य संवसारांत नाच म्हळ्यार चलता. महाभारता सारकेल्या प्राचीन साहित्यांतय प्रादेशिकताय दिसता. टॉलस्टॉय, गोर्की, चेकॉव्ह सारकेल्यांच्या कथासाहित्यांत प्रादेशिकताय रसरसता. प्रादेशिकताये बगर कथासाहित्य जिवें उरूंकच शकना. सगळ्यांचे सभाव एका सारके आसनात. रंग, रूप, आकार, एकेच भशेन आसनात. सगळें सैम एकेच तरेचें ना. ते मेरेन ललित साहित्य प्रादेशिकच उरतलें. हें वेगळेपण ना जातलें तेन्ना ललित साहित्याचें अस्तित्व सोंपतलें. म्हळ्यार, वेगळेपण होच ललित साहित्याचो प्राण. जो कलाकार तें गाड आनी तीव्र रितीन चित्रायता तोच श्रेश्ठ. पर्ल बक, सॉमरसॅट मॉम, मालरो हांचे सारकेले कथाकार जेन्ना आपणालो देश सोडून परदेशांत वतात आनी थंयच्या लोकांचे जिणेचेर बरयतात तेन्ना ते जिणेचें वेगळेपण आनी आगळेपण ते दाखयतात. गोंयच्या साहित्यांत गोंयचेंच जीवन दिसपाक जाय. तें दिसलेंना जाल्यार तो दोश त्या साहित्यिकाचो. प्रादेशिक वेगळेपण समजून घेवपाची आनी तें व्यक्त करपाची तांक साहित्यिकांत आसपाक जाय. तेच प्रमाण विश्वात्मक अशें जें कितें जिवितांत आसता तेंय समजून घेवपाची, उकतावपाची ताक ताच्यांत आसपाक जाय. म्हळ्यार अशें, साहित्यांत प्रादेशिकताये सांगातानच विश्वात्मकताय दवपाक जाय. विंगड विंगड वाठारांतली मनशां विंगडतायेन नटिल्लीं आसली जाल्यारय तांचे मूलभूत सभावधर्म एकच आसतात. तांचें जिवीत श्रेय आनी प्रेय हांच्या झुजांतल्यानच मुखार वता. हे प्रक्रियेंत जें विश्वात्मक आसता तें आपशींच दिसूंक लागता. साहित्यांतय तें येवपाक जाय. प्रादेशिकताय आनी विश्वात्मकताय हांचे मदीं विरोध आसा अशें मानप म्हळ्यार अपुरबुद्द. जें खरेलें प्रादेशिक तेंच विश्वात्मक. प्रादेशिकताय ना थंय मौलिकताय ना. तत्त्व वा सत ढोबळ, भोंगळ, निराकार, रंगांविरयत शैलींत सांगप म्हळ्यार ललित साहित्य न्हय.

## साहित्य आनी रूढ नीत

वेव्हारांतली नीत बदलत आसता. ५० वर्सां आदली नीत आयज अनीत थारता. साहित्यिकांनी मात रूढ नीत मानूं नये. जो साहित्यीक रूढ नितीकच दसून रावता आनी साहित्यनिर्मणी करता ताचें साहित्य उथळ आनी अल्पजीवी थारता.

कलाकाराची नीत एकच आसता. ती म्हळ्यार चिरंतन नीत. मनीसकुळयेच्या कल्याणाची. ही नीत आनी समाजमान्य नीत हांचे मदीं सदांच झगडें

आसता. देखुनूच कलाकार सदांच सांकेतिक, पारंपारिक निती आड उबो रावता. आनी तिची वांकडी नदर जांचे वटेन वळ्ळ्या तांचो तो कैवारी जाता. कलाकाराची नीत फकत चालू घटके पुरती, आपणाल्या पायां पुरती पळेना. ती भवितव्यांतलें, चिरंतनांतलें पळेता. अंतरंगांतलें आनी तळांतलें पळेता. वयले वयलें आनी भायलें न्हय. अज्रंवर सत निर्धारान सांगून तो आपणाली लांब पल्ल्याची, अफाट विस्ताराची नदर वाचप्यांकय दिवन तांची करुणा जागयता...

...दरिद्री कलाकार कितलोय प्रतिभावान आसलो जाल्यारय ताची खडतर परिस्थिती ताची मुक्त निर्मणी आळाबंदा हाडटा. गरिबायेचे अणभव ताका उपकारक आसले जाल्यारय ताणें गरिबायेचें तत्त्वगिन्यान (philosophy) करूं नये. गरिबायेंत प्रतिभा चंवरता आनी बावताय बी... ह्या विशम, निर्शेवण्या संवसारांत आपणाक जियेवपाचें आसा हें कठोर सत काळजांत दवरून ताणें आर्थिक स्वावलंबनाचो मार्ग आपणायले बगर ताका सुटकावाट ना. साहित्यनिर्मणेक चरितार्थाचें मुखेल साधन करूं नये. ते खातीर ताणें हेर साधनांचोय आलाशिरो घेवपाक जाय... ताणें स्वार्थलंपट जावन निर्मणे कडेन दुर्लक्ष करूं नये. पूण वेव्हाराचेंय भान सोडचें न्हय... जे मेरेन आमच्या शासनाक आनी समाजाक साहित्यिकाचे सवस्तकायेची चाड ना, आस्था ना, ताच्या निर्वेध योगक्षेमाची कदर ना ते मेरेन आमच्या हांतात दुसरें आसा तरी कितें?

साहित्यिकाक सत्ता आनी संपत हांचो मोह पडप आसभावीक न्हय. कारण, तें नासल्यार समाजांत उपेक्षाच वांट्याक येता... सत्ता संपत पचोवपाची तांक जांच्या आंगांत आसा तांणी सत्ता-संपत्तीच्या जाळांत उडी मारपाक कांयच हरकत ना. कारण हे नवे अणभवय तांचे साहित्यनिर्मणेक उपकारक थारतात. पूण अशी तांक भोव थोड्या साहित्यिकांत आसता... टागोर, राजगोपालाचार्य, नेहरू, मुनशी अश्यो कांय देखी आमच्या भारतांत पळोवंक मेळटात. म्हाकवी गटे फ्रेडरिक राजाचो प्रधानमंत्री आशिल्लो तसोच आंद्रे मालरो हो द गॉलचे राजवटींत शिक्षणमंत्री आशिल्लो.

### साहित्यीक प्रसिद्धी आनी जायरातबाजी

साहित्यिकाक प्रसिद्धीची गरज आसताच! छापले बगर लोकांक कशें कळटलें? लेखक बरयता तें कोणाक तरी, कितें तरी सांगपा खातीर, आपणा संबंदान आनी संवसारा संबंदान कांय प्रतीत सतां उकतीं करपा खातीर. इंग्लीशींत हाका रेव्हेलेशन म्हणटात... साहित्यिकांक वाचप्याची सानुभूती धीर आनी आदार दिता... साहित्यिकाक वाचप्यांच्या प्रेमादराची भोवच गरज आसता.



**लोकीक सूख आनी स्वास्थ्य आसूं वा नासूं साहित्यिकाच्या मनांत दुख्ख खदखदूंक जाय.**

पूण प्रसिद्धी खेरीत आनी जायरात खेरीत. प्रसिद्धी सभावीक आसता. जायरातबाजी कृत्रिम आनी बादक आसता... हे जायरातबाजीचे लटापटींत तो साहित्यनिर्मणेक गरजेचें आशिल्लें मनीसपण होगडावन बसता. उदेंतेच्या साहित्यिकांनी हो धोको मतींत दवरूंक जाय.

### साहित्याक धोको अहंकाराचो

दुसरो एक धोको अहंकार. जाका प्रतिभेची देणगी लाबल्या ताका हो धोको चड... ताका लागून मनशाची जीण कितली विशाळ, कितली गूढ, कितली गाड हाचो सोद घेवपाचें भान ताका उरना. साहित्याच्या मळार कितले व्हड व्हड तपस्वी जावन गेल्यात हाचीय जाण ताका उरना. ताका लागून आंगांत कलागूण आसुनूय कालांतरान ताका सामान्यांचे गर्दीत वचून बसचें पडटा...

### कामप्रवृत्तीची शक्त

काम हो चार पुरुशार्थां मदलो एक. हिंदुधर्मान ताका कांय मर्यादा घाल्यात. त्यो हुंपल्यार काम निशिद्ध थारता...काम ही मनशाची मूळ प्रवृत्ती. ती अनंत स्वरुपांत वावुरता. प्रेम, शृंगार हीं तिचीं सौम्य रुपां, जाल्यार संभोग हें उग्र रुप. मनीस वेव्हारांत हे प्रवृत्तीची तोखणाय, अपुर्बाय करता आनी साहित्यांत मात तिच्या संसर्गाकय भिता. सीता सावित्रींत ती वावुरता तेन्ना श्रद्धाळू लोक तिची पुजा करतात. क्लिओपात्रा सारकेले स्वर्गीय सुंदरींत ती थैमान घालता तेन्ना हेच लोक तिचो तिरस्कार करतात. ती भावनात्मक आसता तेन्ना ती संथ, शांत, उदात्त दिसता. वासनात्मक जाता तेन्ना ती दाँ जुआँ जावन पतिव्रतांचेर हावळ हाडटा तेन्ना समाज तिका भियेता.

समाज तिची तुस्त करूं वा निंदा, साहित्यिक



**प्रतिभावंत साहित्यीक जें बरयता तांतुंतल्यानूच तंत्र भायर सरता.**

मात तिच्या बऱ्या वायट, सौम्य-रौद्र अश्या साबार रुपांचो आपणाले साहित्य निर्मणे खातीर उपेग करून घेता. व्यास, कालिदास, शृंगार रसान थबथबल्यात... आर्विल्या काळांतलो ऋशी टॉलस्टॉय... एके सादे अस्तुरेच्या पतनांत रंगून 'ॲना कॅरेनिना' ही अमर काणी बरयता... गटेन 'वेर्थर' कथेंत एकनिश्ट मोगाचे धगधगीत शक्तीचें दर्शन घडयलें... 'मादाम बोव्हारी' नय हेच कामप्रवृत्तीची शक्त दाखोवपाची संद घेतली. कामविकाराच्या हुंवरांत व्हांवून वचून ना नपश्चात जाल्ल्या मोग्यांक ह्या साहित्यिकांनी अज्रंवर केल्यात. तेन्ना असल्या विशयाचेर तरणाट्या साहित्यिकांनी बरोवं नये अशें कोण म्हणीत?

तरणाट्यांनी ह्या विशयाचेर मुजरत बरोवंचें... तत्त्वगिन्याना सारक्या विशयांतलें तादात्म्य बौद्धिक पांवड्यार जाता. मोगाचे बाबतींत तें इंद्रियांच्या पांवड्यार जाता. देखून ताका तीव्रताय येता. जिवेपण येता. विकार भावनेच्या पांवड्यार चडटात आनी प्रतिभेचो स्पर्श जाल्ल्यान भावनेक उंचाय येता.

पूण प्रस्न आसा तो हे प्रवृत्तीच्या वेगळ्या वेगळ्या रुपांचें आकलन करून ती कलात्मक रितीन मांडपाचो... स्थिर, संयत प्रतिभाच ह्या घातकी विशयाक फावो तो आकार दिवपाक शकता...

### वाचप्यां कडल्यान धोको

हांगाच आनीक एक धोको संभवता. तो निर्माण जाता वाचप्यां कडल्यान. पूण वाचपी आनी बरोवपी ह्या दोगांकय तो गिळटा... वाचपी मेळटा तें खाता. तें ताका पचूं वा पचूं नाका. ताचे मनबुद्दीक खाल्लें पचलें ना जाल्यार थंय रोग उत्पन्न जाता. हें भान वाचप्यांक उरलें ना जाल्यार बरोवप्यान तें बाळगूंक जाय. वाचप्यांचें निखटें रंजन करप हें श्रेश्ठ साहित्याचें उद्दिश्ट न्हय. रंजन करतनाच ताचें मन विशाळ करप... हें ताचें खरें उद्दिश्ट. विकारी जिणेक विचारांच्या, विवेकाच्या उदात्त पांवड्यार व्हरप हेंच ताचें मुखेल कार्य... श्रेश्ठ ललित साहित्य मनीसपणाची पोसवण करता, ताका जागयता. ह्या मुद्द्याचेर वाद आसचो न्हय. देखूनच लैंगिक पतनाचेर ज्या श्रेश्ठ साहित्यिकांनी बरयलां तांणी पतनाचो पुरस्कार करूंकना. ... विवस्त्र कुडीचीं, संभोगाचीं वर्णनांय अशे चतुरायेन केल्यांत की रसिकांचें लक्ष मुख्य हेतू पसून मात लेगीत पयस वचूं नये. कथाकारान पतनांत रंगप आनी ताच्या भडक वर्णनांत वाचप्यांकय रंगोवप हें ताच्या धर्माक मारक... आपणाले धर्मच्युनीचें समर्थन करपा खातीर तो एके फिलॉसॉफीचो आलाशिरो घेता...

"वास्तवताय जशी आसा तशीच आमी रंगयतात..."

ही फिलॉसॉफी जितली तकलुपी तितलीच आत्म आनी परवंचक... वास्तवतायेचें जुस्ताक जुस्त चित्रण म्हळ्यार कला न्हय. वास्तवतायेच्या जाय तितल्याच भागाचें कलाकारान आपणाल्या सर्जक व्यक्तिमत्वाच्या आदारान जें चित्र काडलां ती खरी कला. ह्या चित्राक एक प्रयोजन आसता हें कलाकारान विसरूंक फावना... कलाकाराक खंयचोच विशय वर्ज्य ना... पूण वास्तवताये कडेन प्रामाणिक रावपाचें जाल्यार समग्र वास्तवताय... इंटिग्रल - रिॲलिटी पळयात, चर्मचक्षूंक न दिसपी वास्तवतायेचो वेध घेयात. भायले वास्तवताये कडेन कित्याक रावतात? तिच्या अंतरंगात रिगात... विकृतीक प्रकृती मानूं नाकात आनी विकृती चित्रायतना तिचीं सामाजिक, आर्थिक आनी हेर कारणां सोदून ती कलात्मक रितीन सूचीत करात. सामाजिकतायेची, सनातन नैतिकतायेची आनी कल्याणाची जाणविकाय कलाकाराक सदां काळ आसपाक जाय. हांतुंतच ताचें व्हडपण. हें व्हिजन जाका ना तो वास्तवतायेच्या पयल्याच पांवड्याचेर शब्दाची कसरत करत रावतलो आनी समाधानी रावतलो.

### गोंयची साहित्यसेवा

कलेचो ध्यास हो गोंयाक मेळिल्लें वरदान. ह्या ध्यासानच तागेल्या व्यक्तिमत्वाक झळाळी आयल्या. ह्या चिमटीभर प्रदेशांत शेंकड्यांनी श्रेश्ठ कलाकार वेगळ्या वेगळ्या मळांचेर लिकलिकून गेल्यात. साहित्यांतय तांची ही निर्मणेची तांक उकती जाल्या.

मराठी साहित्यान गोंयांत भारतीय संस्कृतायेची पोसवण केल्या. मराठी पसून स्फूर्त घेवनच जायते गोंयकार श्रेश्ठतायेक पावल्यात. कोंकणीमोगी गोंयकारांक मराठी विशीं आकस ना. तसो तो आशिल्लो जाल्यार नव्या, तरणाट्या कोंकणी मोग्यांनी मराठीचेर बहिश्कार घालपाचो. कोंकणीक आपणाली भास म्हूण तांणी आपली निश्टा दिल्ली

आसली जाल्यारूय परंपरेन तांच्या रगतांत भरशिल्ले मराठीचे संस्कार तांकां मराठींतल्यान बरोवप करपाक प्रवृत्त करतात.

गोंयकारांची प्रतिभा कोंकणींतल्यान मुक्ततायेन उकती जायत आसली तरी पोरण्या-नव्या साहित्यिकांत जायते फावटीं मराठींतल्यानूय ती प्रगट जातना दिसता. फाटल्या ५० वर्सांत गोंयकारां कडल्यान मराठीची भरपूर सेवा घडल्या. कवी बोरकार आनी दा. अ. कारे, कथाकार सुखठणकार आनी महादेवशास्त्री जोशी हीं पोरणे पिळगेंतलीं नांवां मराठी सारस्वतांच्या सालांत कोरांतून दवरल्यांत. विंगड विंगड साहित्यप्रकारांत बरोवप केल्ले बा.द.सातोस्कार हे एक व्यासंगी साहित्यिक, 'गोमंतकाची प्रकृती आनी संस्कृती' हो तांणी बरयिल्लो ग्रंथ मराठींत भौमानाचो असो थारताच . आनी गोंयकारांकय तो तसोच आभिमानास्पद दिसतलो. ते उपरांतचे पिळगेंतलीं कवी शंकर रामाणी, वि.ज.बोरकार, सुभाश भेंडे, रामदास प्रभु हीं नांवांय दोळ्यांत भरतात. संशोधनाच्या मळार दाजी पणशीकार हांणी 'महाभारत एक सूडाचा प्रवास' हो ग्रंथ बरोवन मोलादीक भर घाल्या. आयची नवी पिळगी मराठी साहित्याचें हें दायज मुखार व्हरतली असो म्हाका विश्वास दिसता.

**कोंकणी मराठी - एकाच प्रदेशांतल्यो दोन न्हंयो**

भास ही संस्कृतायेची वाहक. तत्त्वगिन्यान, सनातन नीत हो संस्कृतायेचो बरो भाग. ताचें वहन साहित्या वरवीं जाता, मागीर तें साहित्य खंयचेंय आसूं... कोंकणी विकसित जाल्यार ती भौजनसमाजाची भास आशिल्ल्यान अदीक सोंपेपणान, सैमीक रितीन तें काम करतली. गोंयांत कोंकणीचो उत्कर्ष आनी विकास जाल्यार कोणाकच भंय ना. भासो ह्यो परस्पर पोषक आनी संवर्धक आसतात. आमी काळाची गती वळखली ना जाल्यार आत्मघातकी थारतले. कांय काळा उपरांत हांगाय हिंदी भास येतली हें भाकीत आयजच करूं येता. मागीर आमगेली भूमिका तेन्ना खंयची आसतली? मराठी आनी कोंकणी ह्यो दोन समांतर न्हंयो. एक ल्हान एक व्हड. एकाच प्रदेशांतल्यान व्हांवपी न्हंयां प्रेषाण भासोय आसतात. एक न्हंय ल्हान म्हूण ती पुरोवन उडोवपाची खटपट व्हड न्हंयच्या वाठारांत रावपी लोक करतात काय? न्हंय ल्हान आसूं वा व्हड ती भोंवतणच्या लोकांक तुश्टी-पुश्टी दिता हें सत आमकां बुद्दीवाद्यांक कळना व्हय?

मुक्तीकाळा सावन आमी सगळे भाशावादाचे बळी जावन झगडले. पयसो, वेळ आनी सवस्तकाय शांती हांचो आमी होम केलो. आमी गोंयकार सौजन्या खातीर फामाद. सहिष्णुताय हो आमगेलो मुखेल गूण. आमगेल्या उदार सभावाची व्हडविकाय गोंया भायले लोक मेकळेपणान गायतात... ह्या झगड्यांत आमी जी शक्त होगडायली तिच्याच बळग्यार मराठी साहित्याची व्हड सेवा आमी करूं येताली...

हांव कोंकणीचो खांपो पुरस्कर्तो आसुनूय मराठीचो एक निश्ठावंत सेवक. बा. भ. बोरकार हे मराठीचें कविकुल. तांणी कोंकणी खातीर मराठीचो त्याग करूंक ना. रवीन्द्र केळेकार हे काल पयर राष्ट्रीय अकादमीची तस्रीप फावो जाल्ले कोंकणीचे आचार्य. पूण ते सुंदर मराठी गद्य बरयतात. डॉ. मनोहरराय सरदेसाय कोंकणीचे प्रतिभावान कवी पूण कोंकणी इतलीच सुंदर मराठी तांणी आपणाल्या लेखनाचे पयले अवस्तेंत बरयल्या. कोंकणी कवी र. वि. पंडित हांणीय मराठी साहित्यांत भर घाल्या. उदय भेंब्रे कोंकणीचे अभिमानी आनी एक कथालेखक. पुण ते ओजस्वी शैलींत मराठी बरयतात. चंद्रकांत केणी कोंकणीचे व्हड पुरस्कर्ते आनी लेखक आसुनूय ते मराठी बरयतात. ते मराठी पत्रकारय बी. अश्यो कितल्योशोच देखी दिवपाक येतल्यो. मराठीवादी बरोवप्यांतय जायते जाण कोंकणीची सेवा आवडीन करतात. बा.द. सातोस्कार, वामन राधाकृष्ण, शंकर रामाणी बी मराठी कवी लेखक कोंकणींतल्यांनूय बरप करतात. अशे आनीक जायते बरोवपी नवे पिळगेंत दिसतात जे सारकेच तांकीन मराठी-कोंकणींत बरयतात. आनी मुजरत मतींत दवरुपा सारकी गजाल म्हळ्यार, सुंदर कोंकणी बरोवपी लेखक मराठी साहित्यांत आपणाले विशेश शैलीन लिकलिकतात. कोंकणी ललित साहित्यान आपणालो प्राथमिक पांवडो केन्नाच हुंपला. काव्य, कथा, ललित लेख बी साहित्यप्रकारांत कोंकणीन थोड्या काळांत व्हड मजल मारल्या. आयज कोंकणी काव्य आनी कथा संख्येन नासली तरी गुणवत्तेन मराठीची सर करपाक लागल्या, इतलें त्या साहित्याक विंगडपण



**भुंयभाशेचें वरदान फांपारून उडयल्यार साहित्य फटीचें आनी अडेचें जाता.**



**प्रादेशिकतायेचें वेगळेपण होच ललीत साहित्याचो प्राण.**

आसा.

मराठी साहित्यिकांनी कोंकणी साहित्याचो अभ्यास केल्यार कोंकणीचीं लवचिकताय, अर्थगर्भ रचना, अर्थवाही अशे सुटसुटीत शब्द, मार्दव, सादेपण अश्या गुणांचो मराठी बरपावळीचेर प्रभाव पडून मराठीकय वेगळो ढंग येतलो. हांव तिका गोमंतकीय शैली (मोड) म्हणीन. कोंकणी साहित्यिकांनी मराठीचो अभ्यास केलो जाल्यार कोंकणीचीय शब्दसंपत वाडत. तिचे मोडीक मराठीचो बाज येत. कवितेक नवीं क्षितिजां लाबतीत. तिका चड परिमाणां येतीत. हें आदान प्रदानाचें काम निखटे समजिकायेचे, सुसंवादाचे भूमिकेचेर आमीं चडलीं जाल्यारच शक्य आसा. ह्याय भयण-भासांनी आपणां मदलें नातें वळखून एकीमेकींचो आदर केलो जाल्यारच त्यो एकीमेकींक उपकारक थारतीत हांतूंत कसलोच दुबाव ना. प्रतिभावंत कोंकणी साहित्यिकांनी मराठींत साहित्यनिर्मणी केल्यार तें मराठी सरस्वतीच्या मंदिरांत रुजू जावंचें ना अशी भिरांक कोणाक ना मू! कोंकणी साहित्यकारांचो मराठीक हातभार लागल्यार ती समृद्ध जावंची ना काय? एकामेकां विशीं दुबाव, दुस्मानकाय बाळगिल्ल्यान कोणाचें हीत जावपाचें ना. आमी सगळींच हे भुंयेचीं भुरगीं. आमचें सांस्कृतिक दायज एकच. एकाच सैमान आमच्यो कुडी आनी मनां घडयल्यांत. राजकारण बदल्लां. साबार मळांचेर आमी एकठांय येत आसात... अशा वेळार आदले अतिरेक विसरून, विकारांक बगल दिवन आमी मराठी कोंकणीच्या भक्तांनी मुखावेली वाटचाल केली जाल्यार रोखडेंच कोंकणी-मराठीचें एक एकठांय संमेलन आमी घडोवन हाडूंक पावतले आनी एकाच व्यासपिठाचेर बसून दोनूय साहित्यांचे उदरगतीचे विचार करप आमकां जमतलें. गरज आसा ती परस्पर विश्वासाची, सहकार्याची. हे कसवटणेक आमी खरे थारूं. हांतूंत दुबाव ना.

### तेजिश्ट साहित्यिकांची गरज

इश्टांनो! आयज आमकां खरी गरज आसा ती असल्या तेजिश्ट साहित्यिकांची. भौसाच्या मनांत सामर्थ्य ओततल्यांची, आड वाटेन वचपी मदांध सत्ताधिशाचेर तुबकां जोखून धरपी तेजबहादुरांची. ही तांक आर्थिक सुबत्ता दिवंक शकना. ती श्रेश्ठ मूल्यांच्या ध्यासानच आंगांत बळटा. निखट्या ध्यासान न्हय जाल्यार ह्या ध्यासान झपाटून वतकच आपणाक जी बेफिकीरी. जो उन्माद, जी धुंदी येता ताणेंच ती येता. खरेल्या साहित्यिकाची नॉर्माल सभाविक अवस्था ही अशी अवस्था जावपाक जाय. तुमी जें बरयतात तें आयज ना जाल्यार फाल्यां, हांगां ना जाल्यार खंयतरी मनशाच्या काळजांत रिगतलें आनी थंयच आपणालें अजरंवर शिल्प कोरांतून वतलें.

म्हजे मुखार म्हाका जायतीं अशीं भुरगीं दिसतात की जांच्या दोळ्यांत प्रतिभेचो इंगळो फुल्ला. तांकां म्हजो होच संदेश - साहित्यनिर्मणेची वाट तुमकां धरपाची आसा जाल्यार आदीं भंयमुक्त जायात. प्रपंचाची उलाढाल करात पूण ताचे शुद्रतायेंत रंगू नाकात. आपणालें मन गंगाजळा प्रमाण नितळ निर्मळ राखपाचो अट्टाहास करात. श्रेश्ठ मूल्यांची जपणूक करत. ते खातीर निस्पृह जायात. प्रस्थापित म्हालगड्यांची कदर ते खातीर करूं नाकात. वेव्हारीक मोहान सनातन नीत सोडूं नाकात. दोट्टी वागूं नाकात. भायर भितर एकच रावात. केन्ना केन्ना तुमची उपेक्षा जायत, तिरस्कार जायत, तुमचेर बहिश्कार पडत. पूण तुमचे फुलिल्ले शक्तीचेर निंबून, संयमान, शांतपणान, वेळार एकांतात रावून, वेळ पडल्यार समाजांत वावरून, खच नासतना साधना करीत रावात. ती करतना जें मनांत रुजतलें तें उतरांनी बांदून काडात. तुमचें आंतरिक तेज तुमच्या साहित्यांत भरून व्हांवूक लागतलें असो एक दीस निश्चितपणान उदेतलो. ताकाच इंग्लेज भाशेंत इल्युमिनेशन म्हणटात. ही साहित्यिकाचे जिणेची पूर्णावस्था. तेन्नाच तुमी कृतार्थ जातले.

सुवराथ मनीस जिणेक विकारांच्या पाशवी पांवड्यार व्हरता जाल्यार कला मनशाचे विकारी जिणेक विचारांच्या उदात्त पांवड्यार व्हरता. हेंच कलेचें मुखेल कार्य.

इश्टांनो, ह्या संमेलनाचें अध्यक्षपद दिवन तुमी जो म्हजो भौमान केलो ते विशीं हांव तुमचें उपकार आठयतां आनी हांगाच थांबता.

*[१९७७त कुडचड्यां भरिल्ल्या 'गोमंतक मराठी साहित्य संमेलना' च्या १५ व्या अधिवेशनाच्या अध्यक्षपदा वयल्यान केल्ल्या उलोवपाचो म्हत्वाचो वांटो]*